आकाशवाणी पणजी

प्रादेशिक खाब्रो

17/12/2025

1920 hrs

<u>मुखेल खब्रो</u>

- हडफड्या बर्च बाय रोमिओ लेन क्लबाचे धनी सौरभ आनी गौरव लुथरा  हांका दील्लीच्यान आयज गोयांत मोपाच्या मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळार पुलिसांच्या खर बंदोबस्त हाडले.
- हडफडे हांगा जाल्ल्या उज्याचे दुर्घटने उपरांत पर्यटन व्यवसायात अ ाशिल्ली हॉटेलां आनी क्लब हांची तपासणी जिल्हो प्रशासनाच्या समितीन हातात घेतिल्ली
- INAS 335 ऑस्पेज हे दुसरं MH-60R सीहॉक हेलिकॉप्टर गोयातल्या INS हंसा या नौदळतळावर नौदलाच्या ताफ्यात आयज अधिकृतपणान दाखल केले.
- SIR प्रकीयेउपरांत आयाज मतदार वळेरीचो मसुदो वेंचणुच आयोगान उजवाडायला अशी म्हायती मुखेल वेंचणुक अधिकारु संजय गोयल हांणी दीला.

हडफड्या बर्च बाय रोमिओ लेन क्लबाचे धनी आनी ह्या क्लबाक लागील्ल्या उज्याचे घडणुकेचे मुखेल दुबावीत सौरभ आनी गौरव लुथरा  हांका दील्लीच्यान आयज गोयांत मोपाच्या मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळार पुलिसांच्या खर बंदोबस्त हाडले. विमानतळाची औपचारिकताय पुराय केल्या उपरांत आरोपींक शिवोली मुळाव्या भलायकी केंद्रात वैजकी तपासणे खातीर व्हेले आनी थंयच्यान तांकां उत्तर गोंय जिल्हो हॉस्पिटलांत फुडल्या वैजकीय चांचणेखातीर धाडले. वैजकी तपासणी उपरांत तांकां हडफड्या उज्याच्या प्रकरणांत रिमांड कार्यवाही खातीर म्हापसा न्यायालयीन दंडाधिकारी पयल्या वर्गाच्या न्यायालयांत व्हेले. ह्या वेळार लुथरा भावांची परतून नव्यान वैजकी तपासणी करपाचो आदेश न्यायालयान दीला .गोंयांत देंवल्या उपरांत थोड्याच वेळान छाती दुखप आनी अस्वस्थताय जाणवील्ल्याचे दोंगा मधल्या एकल्यान न्यायालयात सांगल्या उपरिंत आता परतून भलायकेची चांचणी परतून करपाचो न्यायालयान आदेश दीला.

हडफडे हांगा जाल्ल्या उज्याचे दुर्घटने उपरांत पर्यटन व्यवसायात अ ाशिल्ली हॉटेलां आनी क्लब हांची तपासणी जिल्हो प्रशासनाच्या समितीन हातात घेतिल्ली. काणका ेण लागसारच्या काब द राम ह्या वाठारांत आशिल्ल्या एका रिसॉर्टात सुरक्षेचे उपाय फावो त्या प्रमाणात नात हे लक्षात

आयल्या उपरांत ह्या रिसा ॅर्टाक सील मारिल्ले. आता ह्या रिसॉर्टात सीआरझेड आनी प्रदुशण नियंत्रण नेमाचो कसो किते भंग केला हाची तपासणी करपाखातीर सीआरझेड प्राधिकरण आनी प्रदुशण नियंत्रण मंडळाक जिल्हो प्रशासनान कळयला. दक्षिण गोंयचे येणावळ विभागाचे उपजिल्होधिकारी रोहन लोलयेकार हांणी सीआरझेड प्राधिकरण आनी प्रदुषण नियंत्रण मंडळाच्या वांगडी सचिवांक पत्र बरोवन ही तपासणी करपाची विनंती केल्या. ह्या रिसॉर्टान कितलो बेकायदेशीर विस्तार केला आनी त्याखातीर दर्यावेळ आनी पर्यावरणाचे कितले लुकसाण जाला हाची पळोवणी करची अशें ह्या पत्रात म्हळां.इतले मजगती, दक्षिण गोंयांतली हॉटेलां आनी क्लब हांच्या सुरक्षा वेवस्थेची तपासणी करपाखातीर दक्षिण गोंयच्यो जिल्होधिकारी **ॲ**ग्ना क्लिटस हांणी जी समिती नेमल्या त्या समितीन तिसांवयर आस्थापनांची तपासणी केल्या अानी आपलो अहवाल सादर केला अशी म्हायती दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी कार्यालयातल्यान दिल्या.
INAS 335 ऑस्पेज हे दुसरं MH-60R सीहॉक हेलिकॉप्टर  नौदलाच्या ताफ्यात आयज अधिकृतपणान दाखल केले. गोयातल्या INS हंसा या नौदळतळावर नौदळ मुखेल ऍडमिरल दिनेश त्रिपाठी हांच्या  उपस्थितीत हि कार्यवळीत जाली . नौदळाची सुरक्षा घटमूट करपाचे दिकेन हे एक व्हड पावल आसा . मार्च महिन्यात कोचीच्या आयएनएस गरुड हांगा आयएनएएस 335 सुरू जाले उपरांत MH-60R सीहॉक हेलिकॉप्टर चलोवपी भारतीय नौदळ दुसरें हवाई स्क्वाड्रन जालां. कमिशनिंग वॉरंट कॅप्टन धीरेंद्र बिष्ट, नियुक्त कमांडिंग ऑफिसरानी वाचलें, उपरांत एडमिरल त्रिपाठी आनी अस्तंत नौदल कमांडांतले फ्लॅग ऑफिसर कमांडिंग इन चीफ, व्हायस एडमिरल कृष्ण स्वामीनाथन हांच्या हाजिरेंत कमिशनिंग फलकाचें अनावरण केलें . ह्या सुवाळ्यांत जायत्या विमानांनी फ्लायपास्ट आनी पारंपारीक उदका तोफ सलामी दिल्ली.हे हेलिकॉप्टर भारताच्या दर्यांची खरपणान राखण करतले, अचूक झुजारी शक्त दितले आनी देशाच्या दर्यावेल्या हिताची राखण करपाक खंयच्याय वेळार, खंयच्याय सुवातेर आनी खंयच्याय परिस्थितींत तयार आसतले असो विस्वास ॲडमिरल त्रिपाठी हांणी उक्तायला .आयएनएएस 335 च्या प्रवेशाक लागून अस्तंत दर्यादेगेर भारतीय नौदळाची तांक खूब वाडटली, जाका लागून विकसीत जावपी प्रादेशिक सुरक्षा आव्हानांक तोंड दिवपाची ताची तयारी वाडटली.

संशोधनाक उपयोज्य  तंत्रज्ञानांत रुपांतर करपाक सहकार्य वाडोवपा खातीर एनआयओन  उद्देग प्रतिनिधीं वांगडा  संवाद सत्र घडोवन हाडले.  सीएसआयआर-नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ ओशनोग्राफी, गोंय ह्या  संस्थेने आपल्या हीरक महोत्सवाचो एक भाग म्हूण ‘ब्लू इनोव्हेशन फोरम: इंडस्ट्री मीट’ ह्या नांवान दोन दिसांचे  उद्देग- संस्था  संवाद कार्यावळ घडोवन हाडली. एनआयओ संचालक सुनील कुमार सिंग हांणी ह्या मंचाचें उक्तावण केलें आनी उद्देगीक

सहकार्यावरवीं स्वदेशी दर्या संशोधनाचे उपयोज्य तंत्रगिन्यानांत रुपांतर करपाचेर संस्थेन लक्ष केंद्रीत केल्ल्याचेर भर दिलो.

SIR प्रकीयेउपरांत आयाज मतदार वळेरीचो मसुदो वेंचणुच आयोगान उजवाडायला अशी म्हायती मुखेल वेंचणुक अधिकारु संजय गोयल हांणी दीला.
हे वीशी अधिक म्हायती दीतना तांणी सांगले की SIR प्रकीयेउपरांत गोंयच्या वेंचणूक वळेरेंतल्यान 1,लाख 42,हजार मतदारांचीं नांवां काडून उडयल्यात.जाल्यार 10.84 लाख मतदारांकडल्यान (91.56%) गणना tion फॉर्म एकठांय केल्ले. तातूंतले 72,हजार 471 जाण स्थलांतरीत/अनुपस्थित, 25,574 हयात मरण पाविल्ले तशेंच 1,997 duplicate नोंदणी जाल्ली मेळळी.

16 डिसेंबर 2025 ते 15 जानेवारी 2026 ह्या काळांत दावे आनी हरकती काळांत जर कोणाचे नाव ह्या मतदार वळेरीत सारखे करपाचे आसत जाल्यार अशा मतदाराक रीतसर प्रकीयेउपरांत तांचे नांव परतून वळेरीत घालपाक मेळटले अशें मुखूल वेंचणुक अधिकारी संजय गोयल हांणी सांगलें.

राष्ट्रीय विज्ञान दिसा निमतान पर्वरींतल्या गोंय शिक्षण प्रशिक्षण मंडळान विज्ञान विशयाचेर एकांकी सर्त आयोजीत केल्या. तालुको आनी राज्य पांवड्यार ह्यो सर्ती जातल्यो. डॉ शरद काळे हांची विज्ञान ह्या विशयाचेर 90 नाटकां उजवाडाक आयल्यात. ह्या विशयाचेर सवी ते धावी वर्गांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर एकांकी सर्त आयोजीत केल्या. ही सर्त गोंयच्या सगल्या बाराय तालुक्यांनी तालुक्या पांवड्यार आयोजीत जातली आनी हांगाच्यान वेंचून काडिल्लीं एकांकी राज्य पांवड्या खातीर पात्र थारतलीं अशी म्हायती गोंय शिक्षक प्रशिक्षण मंडळाचे संचालक मेघना शेटगांवकार हांणी दिली. तालुका पांवड्यार हे सर्तींत वांटो घेवपाची निमाणी तारीक 23 डिसेंबर 2025 अशी आसा. तालुका पांवड्यार ही सर्त 23 आनी 24 जानेवारी 202६ दिसा जातली, जाल्यार राज्य पांवड्यावेली सर्त 9 आनी 10 फेब्रुवारी 2026 दिसा जातली.राज्य पांवड्यावेली निमाणी सर्त 28 फेब्रुवारी 2026 दिसा जातली.

काँग्रेस आनी गोवा फॉरवर्ड पक्षाच्या युतीन जिल्हो पंचायत वेंचणुके खातीर बळिश्ट उमेदवार उबे केल्यात तांका वेंचून हाडचे आवाहन काग्रेस पक्ष गोंयच्या नागरीकांक करतात अशें कोंग्रेसीचे गोंय प्रभारी मणिकाराव ठाकरे हांणी आयज पणजे घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार केला.भाजपाच्या सरकाराक गोंयकार विटल्यात,गोयात कायदो आनी सुवेवस्था इबाडल्या असो आरोप तांणी ह्यावेळार केलो.पणजे का◌ॅग्रेस हावसात आयोजीत ह्या पत्रकार परीशदेक का◌ॅग्रेसीचे गोय प्रदेशाध्यक्ष अमित पाटकार , का◌ॅग्रेस पक्षाची राश्टीय सचीव डा◌ॅ.अंजली निंबाळकर, हाजीर आशील्ले.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाणआयज पणजेत चडात चड तापमान३3 .5औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान २३.०० औंश सेल्सिअस नोंद जाला.तशेच मुरगावात चडात चड तापमान३3 .औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान २१.६ औंश सेल्सिअस नोंद जाला . तशेच राज्यात हवामान सुके आसतले. हलके ते मध्यम प्रमाणात धुके पातळू येता अशे वेधशाळेन म्हणला

69 व्या राष्ट्रीय शालेय खेळां सर्तींनी गोंय राज्य पंगदाची निवड करपाक खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान फाल्या तारीख 18 डिसेंबराक सकाळी 10.00 वराचेर कांपाल पणजी हांगा निवड चाचणी आयोजीत केल्या . 14, 17 आनी 19 वर्सा सकयल्या चलेआनी चलयांच्या सायक्लिंग आनी शुटिंग सर्ती खातीर ह्यो निवड चाचन्यो जातल्यो.

गोय विद्यापिठान 18 ते 22 डिसेंबर 2025 मेरेन चेन्नयच्या वेल’स इन्स्टिट्यूट ऑफ सायन्सांत जावपी ए.आय.यूच्या अखिल भारतीय इंटर युनिव्हर्सिटी योगासना दादल्यांच्या सर्तींत वांटो घेवपा खातीर योगासना पुरुष पंगडाची निवड केल्या. पंगडां खातीर किट वितरण आनी निरोप कार्यावळ हालीच गोंय विद्यापिठाच्या खेळां विभागांत जाली.
विद्यापिठाचे सहाय्यक बालाचंद्र जादर,हांच्या हाजिरेंत ही कार्यावळ आयोजीत केल्ली.